आकाशवाणी पणजीच्या

प्रादेशिक खबरा विभागावरवी

23rd June 2026 7.25am

रश्मी/ गणेश भलायकी एमओयू -

गोंय भलायकी संचालनालय, मुंबईच्या टाटा मेमोरियल सेंटरच्या कॅन्सर एपि-डेमिओलॉजी केंद्र आनी युनायटेड किंगडमच्या ऑक्सफर्ड विद्यापीठा मदीं “गोवा केअर्स : लॉन्गिट्युडिनल कोहोर्ट स्टडी 2026” या महत्त्वाच्या प्रकल्पाखातीर, मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत आनु भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांच्या हजेरित कबलात जाली. हेवेळार सरकारी अधिकारी आनी हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले. ह्या अभ्यासांत गोंयातल्या सुमार 1 लाख नागरिकांचो गोडे मुताचे, काळजाची दुयेसां, कॅन्सर आनी श्वसनासंबंधी दुयसांचो अभ्यास करून, दुयेसाक कारण थारपी घटक वळखप, प्रतिबंधक भलायकी यंत्रणा घटमुट करप आनी वैज्ञानिक आधाराचेर धोरण निर्मितीक मदत करप, हो ह्या प्रकल्पाचो हेत आसा. ह्या संंशोधना उपरान भलायकी धोरण आखपासयत, आवश्यक ते उपाय तशेच जतनाय घेवपाक मजत जातली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंंत हांणी सांंगलांं.

Rashmi 120

मणिपुरांत कार्यरत आशिलो आनी बंदी घाल्या पीपल्स लिबरेशन आर्मी संघटनेच्या वाँटेड सदस्याक, गोंय पोलिसांच्या गुन्याव फाट्यान, व्हडा हुषारीन अटक केल्या. फाटल्या 20 वर्सांसांवन तो फरार आशील्लो. पोलिसांनी दिल्ल्या म्हायतीप्रमाण, नोंग-थोंग-बाम-इंगो ऊर्फ कृष्णा ऊर्फ लाल, हो PLA चो स्वयंघोषित लेफ्टनंट कर्नल आशिल्लो. ताका फातोर्डा-मडगांव भागांतून शुक्रार दिसा ताब्यांत घेतलो. उपरांत ताका, मणिपुर पोलिसांच्या सुवाधीन केला. पोलिसांच्या म्हणण्या प्रमाण, ५ जूनाक मणिपुर पोलिसांनी खंडणी प्रकरणांत अटक केल्ल्या दोन उग्रवाद्यांकडल्यान, इंगोची म्हायती मेळ्ळी. त्या म्हायतीच्या आधारार, गोय पोलिसांनी सापळो रचून, ताका अटक केली. प्रकरणाची तपासणी मुखार सुरू आसा.

सुभाष 190

अनुसूचीत जाती आनी जमाती विद्यार्थ्यांखातीरची गोंय इंफो-टेक महामंडळाची लॅपटॉप येवजण जाहीर जातकच, ताचो लाव धावी पास जाल्ल्या भूरग्यानी घेवंचो, अशे आवाहन गोंय शालांत

मंडळान केलां. आनीक कांय दीसांभीतर ह्या लॅपटॉप येवजणे खातीर अर्ज करपाचें पोर्टल सुरू जातलें. पात्रताय आशिल्ले विद्यार्थी ऑनलाईन फॉर्म भरून या येवजणे खातीर अर्ज करूंक शकतात. समिती सगळ्या अर्जांची तपासणी करून दर तालुक्यांतल्यान, पयल्या ५ चले आनी ५ चलयांची निवड करतली. अर्ज करपाची तारीख कांय दीसांभीतर जाहीर जातली.

लेकथेपी - 30

पोखिला लेक-थेपी ही आसामी गायिका, चार दसकां परस चड काळासावन कार्बी संगीत क्षेत्रात कार्यरत आसा. ३०० परस चड पदां गायिल्ल्या ह्या गायिकेक अंदु वर्साचो देशाचो सर्वोच्च नागरी भौमान, पदमश्री फाव जाला

(Byte - Pokhila Lekthepi)

Dip - 240

बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयान 'प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कार' खातीर नामांकनां/अर्ज मागयल्यात. हो एक प्रतिश्ठीत राश्ट्रीय पुरस्कार, जो भारत सरकार भुरग्यांच्या वेगवेगळ्या मळार केल्ल्या, असाधारण कामगिरीची वळख करून दिवपा खातीर दितात. शौर्य, समाज सेवा, पर्यावरण, खेळ, कला आनी संस्कृताय, विज्ञान आनी तंत्रज्ञान अशा स श्रेणींत, गुणवंत भुरग्यांचो भोवमान करपा खातीर हो पुरस्कार सुरू केला. ऑनलाइन नामांकन/शिफारस/अर्ज सादर करण्याची निमणी तारीख ३१ जुलै २०२६ आसा.

Dip - 140

धारबंदोडा तालुक्यांतल्या पिलिये हांगाच्या 'श्री भूमिका देवस्थानाच्या परिसराचे सुशोभीकरण आणि रोषणाई' प्रकल्पाचो बुन्यादि फातर साळगांव मतदारसंघाचे आमदार आनी गोंय पर्यटन उदरगत म्हामंडळाचे अध्यक्ष केदार नायक हांणी घालो. जीटीडीसीन चालीक लायिल्ल्या ह्या प्रकल्पाचो हेतू, देवळाच्या परिसराचे सौंदर्य आणि आध्यात्मिक वातावरण अधिक समृद्ध करप, तशेंच भक्त आनी पर्यटक हांचे खातीर सुविधा सुदारप, असो आसा.

PIB 110

आधार ॲपाक लोकांचो बरो प्रतिसाद मेळपाक लागला आनी एप सुरू जाले उपरांत, पांच म्हयन्यां परस उण्या काळांत 31 दशलक्ष डावनलोडाचो आंकडो हुंपला. जिवीत सोंपें करपा खातीर तयार केल्ल्या, आधार ॲपा वरवीं लोकांक मोबायल नंबर अपडेट करप, आपलो पत्तो अपडेट करप, हि कामां सोपी जाल्यात. आधार ऍप्लिकेशन, आधार धारकांक तांची वळख बाळगुपाक, दाखोवपाक, धाडपाक आनी तपासपाक सुरक्षीत, सोयीस्कर आनी गुप्ततायेक प्राधान्य, असो मार्ग दिवपा खातीर तयार केला.

DIP - 90

केंद्रीय सामाजिक न्याय आनी सशक्तिकरण मंत्रालय 26 जूनाक “आंतरराष्ट्रीय धुंवळी वखदां सेवन आनी बेकायदेशीर वेव्हार विरोधी दीस” पाळटले. ह्या कार्यक्रमाचो भाग म्हूण गोंय सरकारच्या समाज कल्याण खात्यावतीन, गोंयत 17 ते 26 जून मेरेन “नशा मुक्त भारत अभियान, विकसीत भारत की पहचान” ह्या संकल्पने खाला वेगवेगळे कार्यक्रम आयोजीत करून, जागृताय करतले. ह्या सप्तकात शाळां/म्हाविद्यालयांच्या विद्यार्थ्यां खातीर पोस्टर मेकिंग, घोशणा बरोवप, निबंद लेखन सर्त आयोजीत केल्या. तशेंच जागृताय रॅलीय काडटले.

स्पोर्ट्स - 70

गोयच्या रणजी क्रिकेट पगडा खातीर नवो प्रशिक्षक नेम्पाची आस्त आसा. हे विशी जी.सि.एचो विचार चलला.

इंडिया हॉकी -

हॉकींत आयज, एफ.आय.एच प्रो लीग सर्तींत, भारतीय दादल्यांच्या हॉकी पंगडाचो कट्टर प्रतिस्पर्धी, पाकिस्ताना आड खेळ जातलो.

वेदर 50

गोंयांत फाटले दोन दिस, काय वाठारांनी पावसान नेट धरला. ताकालागून गरमेपासून थाकाय मेळ्ळया. तापमानात लेगीत काय अंशांनी घट जाल्या. गोंय वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 31 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 25 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

आणि इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले आयज सांजे ७ जावन २० मिनटांचेर, नमस्कार